**केंद्रीय राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक हांच्या हस्त ुकीं खासदार चषक क्रिकेट सर्तीचे उक्तावण**

ता. 11 मे 2023

केंद्रीय पर्यटन, बंदर ां, जहाजबांधणी आनी उदकामार्ग राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक हांच्या हस्त ुकीं आयज वेरे हांगा आयोजीत खासदार चषक क्रिकेट सर्तीचे मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत उक्तावण जाले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या संकल्पनेतल्यान खासदार चषक क्रिकेट सर्तीचे आयोजन करपात आयिल ्ल्याचे श्रीपाद नाईक हांणी सांगले ं. देशा ंतल ्या युवकांक विविध खेळां सर्तींच्या माध्यमातल्यान निरोगी आनी घटमूट दवरपाची आवश्यकता आसून त्या खातीर देशभर अशा प्रकारच्या विविध सर्तींचे आयोजन करपात येत ा, अशें श्री. नाईक हांणी सांगलें.

युवा लोकसंख्येच ो आमचो देश प्रतिभासंपन्न आसा. कुशळटायेक विविध व्यासपीठांच्या माध्यमातल्यान संद दिवपाची गरज आसा. सरकार अर्थ ीक मदती सयत विविध येवजणांच्या माध्यमातल्यान खेळां कुशळटायेक वाव द िवपाचे काम करत ा. राष्ट्रीय पांवड्यावयल्या विविध सर्तींनी गो ंयचे प्रतिनिधीत्व करपा खातीर खेळगडे तयार जावचे ह्या खातीर अशा प्रकारच्या सर्तींचे आयोजन करपात येत आशिल्ल्याचे श्रीपाद नाईक हांणी सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी ऑक्टोबर-नोव्हेंबर ात जावपी राष्ट्रीय खेळां सर्तींच्या रुपान राज्या ंतल ्या युवकांक बरी संद म ेळटली अशें सांगून युवकांनी विविध सर्तींनी सहभाग ी जावपाक प्रयत्न करचे तशेंच खेळ पळोवपाक उपस्थित रावचें अशेंय तांणी सांगलें.

खासदार चषक क्रिकेट सर्तीच ्या जैतवंत पंगडाक दोन लाख रुपयांच े आनी उपविजेत्या पंगडाक एक लाख रुपयांचे इनाम दितले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/391

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.